१९-०५-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**म्हजी बस येवजण**’ – 140

राज्य सरकारन ‘म्हजी बस येवजण’ कांय बदलां सयत आता नव्यान अधिसुचीत केल्या. २०२३ वर्सा सावन ही येवजण चालू आसा. नवे येवजणेंत खाजगी बसधनयांक आदले परस अदीस सुविधा दिल्यात. हे प्रमाण बस चालकांक प्रती किलोमीटर ३ रुपया अनुदान, विम्यांतलो ५० टक्के निधी तशेंच नवी बस घेवपा खातीर १० लाख रुपयां मेरेन मजत मेळटली. आदले प्रमाण चालकांक तिकेट विक्रेंतलो वांटो कदंबाक दिवचो पडचोना.येरादारी खात्यान हालींच अधिसूचीत केल्ले येवजणे प्रमाण गरजेचे परवाने आशिल्ल्या बस चालकांक हे येवजणेचो लाव घेवपाक मेळटलो. अर्जदार गोंयचे नोंदणीकृत बस धनी आसप गरजेचें. बस चालकांक तांच्या बसींचेर दाखोवपी जाहिरातींतल्यान मेळपी उत्पन्नाची ५० टक्के रक्कम कदंब महामंडळ प्रशासकी आनी हेर खर्चा खातीर राखून दवरतले.

हे येवजणे खाला कदंबा म्हामंडळाचो स्मार्ट ट्रांझिट पास आनी स्मार्ट ट्रांझिट कार्ड सगल्या बशींनी वैध भाडें म्हणून मान्य करतले. ह्या पास आनी कार्डी वरवीं एकठांय केल्ली रक्कम म्हामंडळान थारायिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण त्या त्या संचालकांक परत दितले.

Cashew fest

आफ्रीका उपरांत संसारात काजुची चड पिकावळ  गोंयांत घेतात.ताका लागुन गोंयच्या काजु पिकावळीक उर्बा दीवपाक गोंय सरकार महत्व दीता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. explore , empower and enrich ह्या संकल्पनेवरवी पणजे कांपाल डी.बी .बांदोडकर मैदानाचेर घडोवन हाडील्ल्या तिस-या काजू महोत्सवात वाटेकार जाल्या उपरत ते उलयताले.गोंयचो काजु आनी काजवापासत तयार जावपी जिन्नस,पेय,तशेच हेर वस्तु संसारभर फामाद आसा अशें पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी काजू महोत्सवाक भेट दिल्या उपरांत सांगले. जाल्यार गोंयचो काजु हो कीतल्याश्याच शेतकाराचे उत्पन्नाचे स्रोत जांवन आसा, गोयच्या ह्या पिकावळीक व्हड माची दीवपाच्या नदरेतल्यान गोय रान म्हामंडळ काम करता अशी म्हायती ह्यावेळार ह्या म्हामंडळाची अध्यक्षा

दोतोर देविया राणे हांणी दिली. भलायकी  मंत्री विश्वजीत राणे तशेंच हेर मानेस्त हेवेळार हाजीर आशील्ले.

**शिबिर आयोजित**

199

फोंडा हांगाच्या आदर्श सेवा फावंडेशनान माशेलच्या "आयकेअर ऑप्टिकल" आनी ऍडव्हान्सड डेंटल क्लिनिक आनी कॉस्मेटिक्स हांच्या पालवान मोफत दोळे आनी दात तपासणी शिबिर घडोवन हाडले. ही कर्यावळ वाघुर्मे पंचायत सभाघरात काल जाली. ह्या  कार्यावाळीत आदर्श सेवा फावंडेशनाचे संचालक आदर्श तोरास्कर, मुखेल सोयरे म्हूण वेरे-वाघुर्मेची सरपंच श्रीमती शोभा पेर्नी, ऑप्टीशियन. ममता खेडेकार, डॉ मानसी राणे आदी मानेस्त हाजिर अशिल्ले. बायलांक सशक्त करुन देशाक घटमूट करपाक यत्न करांत अशे आवाहन आदर्श तोरस्कार हांणी केलें. तशेंच आदर्श सेवा फाउंडेशन तरेकवार सामाजिक संघटनांच्या पालवान वेगवेगळे उपक्रम आनी उपेगी  अश्यो जायत्यो कार्यावळी सतत चालीक लायता अशें तांणी सांगलें.  बायलांक सशक्त करपा खातीर तांकां कला आनी कुशळटाये वरवीं वेगवेगळ्या प्रकारचें प्रशिक्षण दितात आनी ताचेर आदारून तांकां स्वताचो उद्देग वेवसाय उबारूंक मेळटा  आनी पर्यायान, स्वताक सशक्त करून, तांचें घर, गांव आनी देश सशक्त करपाक तांचो पालव लाभता अशे म्हळे.

मुखेल सोयरे ह्या नात्यान हाजीर राविल्ल्यो वेरे-वाघुर्मे पंचायतीच्यो सरपंच शोभा पेर्नी हांणी आपल्या उलोवपातल्यान  बायलो आपल्या कलाकुशळटायेचो उपेग करून उद्देगीक मळार धीटायेन उबी रावपाक लागल्यात आनी भारत सरकारानय बायलांक सशक्त करपा खातीर वेगवेगळे उपक्रम चालीक लायल्यात अशी म्हायती दिली .आदर्श सेवा फाउंडेशन भलायकी आनी हेर सामाजिक पावंड्यार बरे काम करता अशेय ताणी म्हळे.

**हवामान** - ९०

हवामान खात्यान फुडले ३ दीस राज्यांत वादळी वार्यासयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. ते खातीर पावसाचो यलो एलर्ट जालीं केला.   23 मे मेरेन हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. हवामान खात्यांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाण  पणजेंत चडांत चड तापमान 33.05  अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 27.04  अंश सेल्सियस इतलें नोंद

जाला. जाल्यार मुरगांवात चडांत चड तापमान 34. अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान 27 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला. फुडले ५ दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 34 अशं ते उण्यांत उणे तापमान 27 अंश सेल्सियस इतलें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

आयपीएल - १७०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल राती दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात गुजरात टायटन्स पंगडान दिल्ली कॅपिटल्स पंगडाक १० गड्यानी हारयले. दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान गुजरातपंगडामुखार जैताखातीर २०० धावंड्यांचे मोख दवरील्ले. के एल राहूल हांणे नाबाद ११२ धावंडयो केल्यो. गुजरातचे सलामीवीर खेळगडे साई सुदर्शन आनी कर्णधार शुभमन गिल हांणी एक्कूय गडो वगडाय नासताना नाबाद रावन हे मोख हुंपले. साई सुदर्शन हांणे बेसबरो खेळ करताना शेकडो मारलो जाल्यार गिल हांणे ९३ धावंड्यांचे योगदान दिले.

जयपूरातल्या सवाई मानसिंग स्टेडियमात जाल्ल्या आनीक एका खेळात खेळात पंजाब किंग्ज पंगडान राजस्थान रॉयल्स पंगडाक १० धावंड्यांनी हारयले. राजस्थान पंगडामुखार २२० धावंड्यांचे मोख पंजाब किंग्स पंगडान दवरील्ले. पूण तांका निर्धारित २० षटकांत ७ बाद २०९च धावंड्यो करप शक्य जाले.

ह्या जैता उपरांत, गुजरात टायटन्सने गुणतालीकेत पयल्या सुवातेर पावले आनी प्लेऑफखातीर लेगित तांणी पात्रताय मेळयली. तशेच रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू आनी पंजाब किंग्ज पंगडानीय प्लेऑफात प्रवेश केला. प्लेऑफात पावपी चौथ्या पंगडाखातीर आजून सर्त सुरू आसा. आयज लखनौच्या भारतरत्न श्री अटलबिहारी वाजपेयी एकाना क्रिकेट स्टेडियमात लखनौ सुपर जायंट्सच सनरायझर्स हैदराबाद पंगडा आड खेळतलो . हो खेळ सांजे ७.३०क जातलो.